Aakashvani Panaji Regional BULLETIN 7.20 PM 23RD DECEMBER 2025

Cm vehicle

गोंय पुलिशेच्या येरादारी विभागाक आनी आपत्कालीन तशेच अपघातावेळार लागपी vehicle mounted camera vehicle  तशेंच crane आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज संबंधीत फाट्याक दील्या.रस्ते नेम आनी शिस्तीचे गांर्भीर्य लक्षात घेवन सरकारान ह्यो गाडयो पुलीशेक दीला.body mounted camera चो उपेग करून  गाडयो चलयतना रस्त्याचे नेम मोडप्यांचेर कारवाय करपाक अशा पद्धतीच्या यंत्रणचो उपेग करपी गोंय हे देशातले पयले राज्य आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.ह्यो गाडयो केंद्रीय गृह खात्याकडल्या मेळ्ळील्लो निधी, यरस्तो सुरक्षा वेवस्थापन तशेंच राज्य सरककाराच्या निधीचो उपेग करून घेतला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्या दील्या.

CM pli

गुंतवणूक प्रचार मंडळ म्हळ्यार इन्वेस्टर्स प्रोमोशनल बोर्ड बसकेंत  खुबशा प्रकल्पाचे उलोवणे झाले अशे मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हानी म्हणाला . PLI येवजन वरवी ३ कंपनांचे प्रस्ताव यायला . PLI SCHEME वरवीं  गुंतवणूक आणि हेर संधीक  चालना मेळटाली . राज्यांत 100 कोटी परस चड गुंतवणूक करप आनी रोजगार मागीर आमी प्रोत्साहन दितले अशे मुखेलमंत्री दर. प्रमोद सावंत हाणी  म्हणला

Pres

अर्थीक गुंतवणूक आनी वाड करपाच्या मुखेल चालकां मदीं सुरक्षा ही एक अशें राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. ‘समृद्ध भारत’ बांदपा खातीर ‘सुरक्षीत भारत’ बांदप गरजेचें अशें तिणें सांगलें. आयज नवी दिल्लींत 38वें गुप्तचर ब्युरोचें शतमानी एन्डॉवमेंट व्याख्यान दितना राष्ट्रपती हांणी सांगलें, भारताक बहुआयामी सुरक्षा

आव्हानां आनी धोक्यांक तोंड दिवचें पडलां. शिमेवयल्या वाठारांनी तणाव, आतंकवाद आनी उग्रवाद, बंड आनी कोमुनिदादीक कट्टरपंथीपण हे सुरक्षा चिंतेचे पारंपारीक वाठार आशिल्ले अशें तिणें सांगलें.फाटल्या वर्सांनी सायबर गुन्यांव सुरक्षा खातीर व्हड प्रमाणांत धोको निर्माण जाल्यात अशें राष्ट्राध्यक्ष मुर्मू हांणी सांगलें. देशांतल्या खंयच्याय वाठारांत सुरक्षा नाशिल्ल्यान ताचो अर्थीक परिणाम परिणाम जाल्ल्या वाठारा भायर जाता अशें तिणें रेखांकित केलें.जायत्या उपक्रमांतल्यान समाजांचो विस्वास मेळोवपा खातीर एक समग्र पद्दत आपणायली अशें अध्यक्ष मुर्मू हांणी नदरेक हाडलें.

rashmi

25-30 डीसेंबर ह्या काळात भाजपावतीन राज्यात गोंयात अटल स्मृति परिशदेचें आयोजन केलां. आयच्या तरणाट्यांक अटल बिहारी वाजपेयी आनी ताच्या समाजीक वावराची म्हायती मेळची म्हणून राज्यभर हें परिशद घडोवन हाडटात अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ह्यावेळार पक्षाच्या जायत्या कार्यावळीवीशी बसका घेतली. आनी फुडल्या दिसांनी जावपी जायत्या कार्यावळींचेरूय चर्चा केली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

जिल्हो पंचायत वेंचणुकेत जैतीवंत जाल्या सगळ्या जिला पंचायत उमेदवारांक परबीं दिवपा खातीर आयज भाजपान पणजे एका नामनेच्या हाॅटेलात बसका घेतली.ह्या बसकेउपरांत पत्रकारांकडे उलयतना मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दील्या.

Mhadei

म्हादय उदकाच्या तंट्याच्या फांटभुयेर स्थापन जाल्या म्हादय प्रवाहची बसका फाल्या बुदवारा नवी दिल्लीत जातली. म्हादय न्हंयचेर ल्हान (मायनर) उदका प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचो विशय अजेंड्याचेर आसा. उदका पुरवण खात्याच्या अधिकाऱ्यां कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी.प्रवाहची ही पाचवी बसका आसा. म्हादय पात्रात शेती तशेच पियेपाच्या उदका खातीर ल्हान प्रकल्प उबारपाचो प्रस्ताव आसा. गोंय सरकारान तरेकवार थळांचेर उदका प्रकल्पांचे प्रस्ताव तयार केल्या. ह्या प्रकल्पांक प्रवाहाची

मान्यताय आवश्यक आसा. मान्यताय दिवपा खातीर किदें पद्दत आसची, हे विशी प्रवाहान तीनूय राज्यांकडेन सुचोवण्यो मागिल्यो. ह्यो सुचोवण्यो तशेच मान्यतायेचो विशय अजेंड्याचेर आसा.

Jan

गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान घडोवन हाडिल्लो 'सृजनसंगम २०२६' ह्या युवा महोत्सवात वांटेकार जावपा खातीरची नोंदणी मुजत आता २ जानेवारी २०२६ मेरेन वाडयल्या. हे आदी २० डिसेंबर मेरेन नांव नोंदणी करची  अशें आवाहन गोवा मराठी अकादमीन केल्ले.  'सृजनसंगम २०२६' ह्या युवा महोत्सवाची पुराय कार्यावळ जाहीर जाल्या. ५ जानेवारी २०२६ दीसा जावपी ह्या युवा महोत्सवात वांटेकार जावंचे खातीर उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी आपले पंगड तयार दवरचे अशें गोवा मराठी अकादमीन मागलां. गीत , नृत्य, नाट्य , काव्य , वेषभूषा , रांगोळी , भित्तीपत्रक अश्या साबार कला प्रकारांत वांटो घेवपाक आपल्या महाविद्यालयाच्या प्राचार्या मार्फत गुगल फॉर्म भरचो अशें ह्या विशींच्या खबरेंत म्हळां. सृजन संगम महोत्सवाविशीं चड म्हायती खातीर गोवा मराठी अकादमी कडेन संपर्क सादचो अशें अध्यक्ष प्रा. अनिल सामंत हांणी कळीत केलां.

MELA

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालनालय (डीएसडीई) 30 डिसेंबर 2025 दिसा पणजी सरकाराच्या आयटीआय, आल्तिन्हो, पणजी, उत्तर गोंय हांगा सकाळीं 9:30 वरांचेर प्रधानमंत्री राष्ट्रीय अप्रेंटिसशिप मेला (पीएमएनएएम) घडोवन हाडटा. अप्रेंटिसशिप मेलांत साबार भौशीक/खाजगी आस्थापनांनी वांटो घेवपाची अपेक्षा आसा. इत्सूक आयटीआय धारक आनी हेर थळावे तरणाटे सकाळीं 09.30 वरांचेर वयर

दिल्ल्या सुवातेर अहवाल दिवन नोंदणी करूंक शकतात आनी आपली कारकीर्द उबारपा खातीर ही भांगराळी संद घेवंक शकतात.

Legal authority

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरण डिसेंबर 2025 आनी जानेवारी 2026 म्हयन्यांत घुंवळी वखदांचा दुरुपयोगाचेर खाशेली जागृताय मोहीम- घुंवली वखदा : समाजाक धोको ह्या विषयाचेर 30 दिसांची खाशेली जागृताय मोहीम घडोवन हाडटा.

LOKUTSAV

कला आनी संस्कृती संचालनालय, वेस्ट झोन सांस्कृतीक केंद्र उदयपूराच्या सहकार्यान वर्सुकी राष्ट्रीय लोक महोत्सव "लोकोत्सव 2026" दर्या संगम, कला अकादमी, कॅम्पल हांगा घडोवन हाडटले. लोकोत्सव महोत्सव 2026 खातीर आपले स्टॉल घालपा खातीर हस्तकला कारागीर परवानो आशिल्ल्या आनी हस्तकला, हातमाग, पारंपारीक दागिने आदी उत्पादन करपी इत्सूक गोंयच्या कारागीर व्यक्तीं कडल्यान खात्यान थारायिल्ल्या फॉर्मांत अर्ज मागल्यात. तशेंच महोत्सवाच्या वेळार पारंपारीक गोंयकार/भारतीय रेसिपी, गोंयचे पारंपारीक नाश्टे आदी पॅक केल्लीं/पारपाचीं खाणां-जेवणाचीं वस्तू घालपा खातीर अन्न परवानो आशिल्ल्या गोंयकार व्यक्तीं कडल्यानय अर्ज आपयतात.भारतांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांतले सुमार 500 सादर कलाकार ह्या महोत्सवांत वांटो घेतले आनी आपल्या राज्यांतले लोकनाच आनी लोकसंगीत सादर करतले. भारताच्या वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान आनी गोंय राज्यांतले 600 परस चड हस्तकला व्यक्ती आनी पारंपारीक खाणां विक्रेते आपले हस्तकला, हातमाग आनी पारंपारीक दागिन्यांची वस्तू आदी दाखोवपाक आनी विकपाक, महोत्सवाच्या काळांत आपले स्टॉल दवरतले.स्टॉल शुल्क सगळ्या स्टॉलांक लागू जातले. हस्तकला आनी पॅक केल्लें जेवणाचे स्टॉल 2 व्यक्तींनी वांटून घेतले आसतले आनी ते प्रमाण शुल्क वांटून घेतले. स्टॉल वाटप करतना तेंच फकत डेबिट कार्ड वा यूपीआय वरवीं फारीक करचें पडटा. अर्ज फॉर्माचो शुल्क @ 10/- रुपया आसतलो. हस्तशिल्प स्टॉल खातीर अर्ज फॉर्माचो लाव घेवपा खातीर सक्षम प्राधिकरणान जारी केल्लें कारागीर कार्ड आनी फोटो वळख पुरावो (ईपीआयसी/वेंचणूक कार्ड) आनी पॅक केल्ल्या अन्न/सेवा दिवपी

अन्न खातीर अर्ज फॉर्माचो लाव घेवपा खातीर फोटो वळख पुरावो  घेवन वचप सक्तीचें आसा.23-24 डिसेंबर 2025 दिसा 23-24 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळीं 10.00 ते सांजवेळा 5.00 मेरेन पट्टो पणजी हांगाच्या संस्कृति भवनांतल्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांत मर्यादीत प्रमाणांत अर्ज फॉर्म मेळटले. वेवस्थीत भरलेले फॉर्म खरपणान 29 डिसेंबर 2025 दिसा वा ताचे आदीं सांजवेळा 5.30 मेरेन खात्याक सादर करचे पडटले. उशीराच्या अर्जांचें मनरिजवण जावचें ना. हे अर्ज फॉर्म फकत गोंयच्या हस्तकला कारागिरां खातीर, पॅक स्टॉल /सेविंग फूड विक्रेत्या स्टॉल खातीर आसात.